## आंतरराष्ट्रीय युवा दीस मनयलो

## म्हायती, शिक्षण आनी जागृताय मोहिमेचो शुभारंभ

ता. 12 ऑगस्ट 2024

गोंय राज्य एड्स नियंत्रण सोसायटीन आयज पर्ये सत्तरी हांगा श्री भुमिका नर्सिंग म्हाविद्यालय आनी श्री भुमिका उच्च माध्यमिक विद्यालयाच्या जोड पालवान आयोजीत केल्ल्या कार्यक्रमात आंतरराष्ट्रीय युवा दीस मनयलो.

पर्येच्यो आमदार आनी गोंय रानां विकास म्हामंडळाच्यो अध्यक्ष डॉ. देविया राणे हांच्या हस्तुकीं कार्यक्रमाचे उक्तावण जाले. कार्यक्रमात म्हायती, शिक्षण आनी जागृताय मोहिमेचो शुभारंभ केलो. तशेंच 17 व्या रेड रिबन क्लबाचे उक्तावण केले आनी गोंय राज्य एड्स नियंत्रण सोसायटीच्या मॅस्कॉटाचे अनावरण केले.

ह्या वेळार उलयतना डॉ. देविया राणे हांणी समाजामदीं एचआयव्ही/एड्स विशीं जागृताय निर्माण करपा खातीर युवकांनी फुडें येवपाची गरज आशिल्ल्याचें सांगून लोकांक एचआयव्ही/एड्स रोगाविशीं सुशिक्षीत करून तांकां ह्या रोगापासून पयस दवरपाक मदत करपाक सांगलें.

भलायकी सेवा खात्याचे उपसंचालक डॉ. शाहिन सय्यद हांणी एचआयव्ही/एड्स रोगाविशीं लोकांमदीं जागृताय करपा खातीर युवकांनी रेड रिबन क्लबाच्या मोहिमेत वाटो घेवपाचो उलो मारलो.

गोंय राज्य एड्स नियंत्रण सोसायटीचे प्रकल्प संचालक डॉ. ललिता उम्रस्कर हांणी संस्थेच्या उपक्रमांची म्हायती दिली.

जिल्हा पंचायत वांगडी श्री. सगुण वाडकर, श्रीमती देवयानी गावस, सरपंच श्रीमती रती गांवकर, श्री भुमिका उच्च माध्यमिक विद्यालयाचे प्राचार्य श्री. यशवंत सावंत, भलायकी अधिकारी डॉ. विकास नाईक आनी हेर मानेस्त कार्यक्रमाक उपस्थित आशिल्लें.

सुरवातीक श्री भुमिका नर्सिंग म्हाविद्यालयाचे प्राचार्य डॉ. एस. वसंथकुमारी हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो.

श्रीमती दिक्षा परब आनी निशा गांवकर हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले. श्री भुमिका उच्च माध्यमिक विद्यालयाचे प्राचार्य श्री. यशवंत सावंत हांणी निमाणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/393

--

-----------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan, Panaji – Goa.